# राज्य पत्रकारीता पुरस्काराखातीर प्रवेशिका

ता. 12 ऑक्टोबर 2017
20 आश्विन 1939

गोंय सरकारान माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यामार्फत गोंय राज्य पत्रकारीता पुरस्कार सुरू केल्यात. हे पुरस्कार आदल्या वर्सा प्रसिध्द जाल्ल्या उत्कृश्ट बातमी, लेख, छायाचित्र अशा सात वर्गानी रोख 10,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी मानचिन्ह स्वरूपात दितले. ता. 16 नोव्हेंबर 2017 दीसा राष्ट्रीय पत्रकारीता दीस कार्यक्रमात पुरस्कार भेटयतले.

संबंदीत दैनिक आनी इलेक्ट्रॉनिक माध्यमांच्या संपादकानी शिफारस केल्ल्या पत्रकारांमदल्यान निवड समिती राज्य पत्रकारीता पुरस्काराखातीर निवड करतली. उत्कृश्ट संपादक-राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजिक सलोखो, ग्रामीण पत्रकारीता, भौशीक भलायकी आनी नितळसाण विशयाचेर पत्रकारीता, बायला आनी भुरगीं/सामाजिक प्रस्नांचेर पत्रकारीता, खेळा पत्रकारीता, कला आनी संस्कृती विषयाचेर पत्रकारीता आनी छायाचित्र पत्रकारीता (वर्साचे उत्कृश्ट छायाचित्र) अशा वर्गातल्यान पुरस्कार दितले.

पत्रकारांनी आपले प्रस्ताव ता. 27 ऑक्टोबर 2017 मेरेन माहिती आनी प्रसिध्दी संचालनालय, पणजी हांगा सुपूर्द करचे.